Akashvani Panaji Goa

Regional News

7.25am 20.08.24

---

गोंयांत फुडल्या वर्सा 1/ नुस्तेमारी वेवसायातलो पदवी अभ्यासक्रम सुरु करपाचो अशें राज्य सरकाराचो विचार आसा. A मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आखन नुस्तेमारी संचालनालयान / पणजे नुस्तेमारी जेटीचेर सुता पुनवे निमतान आयोजीत कार्यक्रसाळ, उलयताले साले ह्या वेळार मुख्यमंत्री हूँ. प्रभेद सावंत हांणी नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री श्री नीळकंठ हळर्णकर हांच्या उपस्थितीतू दर्यात नाल्ल सोडून आनी दर्याची पुजा करून नुस्तेमारीचीहासाची सुरवात केली.

गोंयांत नुस्तेमारी वेवसायातलो / पदवी अभ्यासक्रम सुरु जालो / जाल्यार नुस्तेमारी वेवसायातले/नवीन तंत्रज्ञान उपलब्ध जावपाक मदत जातली. सध्या गोंयांतले चार विद्यार्थी राज्याभायल्या कॉलेजीनी/ नुस्तेमारी वेवसायातले पदवी शिक्षण घेतात आनी सरकार तांकां मदत करता, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. घेतात/आनी पानी

फुडे उलयतना मुख्यमंत्र्यानी नागरीकांक / गोंयच्यो न्हयो नितळ दवरपाचो उलो मारून न्हयांनी प्लास्टिक आनी हेर कोयर उडोवपाच्या लोकांच्या कृतीचेर हुस्को उक्तायलो. असो, कोयर नुस्ते खाता आनी ताका लागून न्हय फकत दर्यातल्या संपत्तीचेर परिणाम जाता, जाल्यार अशें नुस्ते खाल्ल्यान मनशाच्या भलांयकेचेरय वायट परिणाम जाता, अशें सांगले.

मुख्यमंत्र्यानी गोयच्या लोकांक आपलो पारंपारिक नुस्तेमारी वेवसाय वाडोवपाचो आनी सांबाळून दवरपाचोय उलो मारलो.

नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री श्री. नीळकंठ हळर्णकर हांणी नुस्तेमारी समाजाक सुता पुनवेची परबीं दिवन / नुस्तेमारी वेवसाय वाडोवपा खातीर राज्य आनी केंद्र सरकारा वतीन चालू आशिल्ल्या प्रयत्नांची म्हायती दिली. नुस्तेमारी समाजाच्या फायद्याखातीर खात्यावतीन वेगवेगळया येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता.

कोंकणी लेखक संघ आनी अर्थ प्रकाशन हांणी संयुक्तपणान आयोजीत केल्ली / कोंकणी राष्ट्रमान्यता दिसाची कार्यावळ फाल्यां ए० ऑगस्टाक जातली. ह्या निमतान म्हालगडे कोंकणी संगीतकार रामानंद रायकार हांकां ख. मंजुनाथ दास कामत स्मृति कोंकणी भक्ति सेवा पुरस्कार जाल्यार युवा कार्यकर्ते सूरज कोमरपंत हांकां व रमाकांत वेर्णकार स्मृति / कोंकणी भास सेवा पुरस्कार दिवन ओवमान जातलो भावमानीत करतील पणजेच्या श्री

सरस्वती मंदिराच्या / फोमेन्तो ऑडिटोरियमांत दनपारां 2.30,. वरांचेर / ही कार्यावळ जातली. ज्येश्ठ कोंकणी कवी नूतन सखरदांडे मुखेल सोयरे आनी ज्येश्ठ कोंकणी साहित्यीक देवीदास कदम अध्यक्ष म्हणून हाजीर आसतले. ह्या वेळार रमाकांत बेर्णकार स्मारक कोंकणी कविता सीत जैतिवंत जाल्ल्यांक है इनामी वाढून भराव

बेकायदा दोंगर कापणे खातीर 25 लाखांचो तालाव घालपाची तजवीज करपी दुरूस्ती नगरनियोजन कायद्यात जातली. आता मेरेन बेकायदा दोंगर कापणेचेर खात्यान 900 गुन्याव नोंद केल्या. ऑर्चड जमिनीचेर भूखंड केल्यार कारवाय जातली, अशें नगरनियोजन खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगले.नगरनियोजन मंडळाच्या बसके उपरांत पत्रकार परिशदेत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी ही म्हायती दिली. राज्यात बेकायदा दोंगर कापणेचे प्रकार सुरू आसा. कागाळ आयली काय खाते पळोवणी करून गुन्याव दाखल करतात. न्यायालयात तरेकवार कारणाक लागून खटलो टिका ना. हाका लागून गुन्याव दाखल केलो म्हूण पुराय थारचे ना. नगरनियोजन कायदो खर करचो पडटलो. 25 टक्के ग्रेडीएंट (उतार) परस चड दोंगर कापणी जाली, जाल्यार 25 लाख रूपया तालांव जातलो. ऑर्चड जमनीचेर भूखंड केल्यार कारवायेची तजवीज कायद्यात जातली, अशें तांणी सांगलें. वाळपक मतदारसंघात धारखंड हांगा 100 बेकायदा भूखंड केल्या. पंचांनी ही गजाल नदरेक हाडल्या उपरांत गुन्याव नोंद केला. हाचे फुडे व्हडल्या प्रकल्पांक वा इमारतींक हरीत प्रमाणपत्र घैवप सक्तीचे आसतले. हे विशी मार्गदर्शक तत्वा वा नेम बेगिनूच तयार जातले, अशें मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.

गोंय रान म्हामंडळ आनी गोंय पर्यटन खात्यान कालच्यान दुंदसागर ट्रेकीस बुकींग करपाखातीर खासा वेबसायट आयच्यान चालीक लायल्या.

www.doodhsaga rtracking. com अशर हे संकेतस्थळ जांवन आसा ह्या वेबसायटीचे लाँच आज गोंय रान म्हामंडळाची अध्यक्षा आनी आमदार दोतोर हो सकूतस्थळ उतवाडाक हाडल देविया राणे हांच्या हस्तुकी जाले पर्यटक तशेंच ट्रेकींग मोगीनी ह्या वेबासायटीवरवी तांच्या ट्रेकींगाचे बुकींग करचे, अशे गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष गणेश गावकार हांणी ह्यावेळार कळीत केला.

सरकारान चालीक लायिल्लया ह्या वेबसायटी वरवी ढुंदसागराचेंर ट्रेकींगांक येवपी मनशांक लोकांक पर्यटन खात्याचो/प्रशिक्षित गायड दितले. दुंदसागर ट्रेगिकांखातीर ५२७ रुपया प्रत्येकी ह्या प्रमाण शुल्क घेतले. हिंण्टरलॅण्ड टुरीझमाक उर्बा दिवप्राची मोख दवरुन दुदसागर ट्रेमिक मोग्यांखातीर हे संकेस्थळ आम्ही लॉच केला अशी म्हायती गणेश गावकार हांणी दिला.

जाल्यार ढुंदसागर वाठारात कोयराच्यो राशी जावच्यो न्ही हाची रान म्हामंडळ पुरया जतनाय घेता. थंय प्लास्टीक बाटल्यो, पोतयो, तशेचं हेर वस्तु व्हरपांक बंदी आसा. तारीकय जे वचनी दुंदसागराचैर ट्रेकिगांक बता ताणी त्मे वाठार नितळ दवरचो अशे आवाहन दोतोर देविया राणे हांणी केला.

विद्यार्थ्यांक वखदी वनस्पतीची वळख करून दिल जाल्यार झाडा पाल्यांची वखदां दिवंपाची परंपरा अबाधित उरतली अशे गांवठी वखदा तज्ञ तशेच माटोळी कलाकार की कांता सतरकार हांणी सांगले. ते कुटी फोर्डच्या बी अमेय उच्च माध्यमिक विद्यालयान आयोजित केल्ल्या सैम भोंवडे उपरांत उलयताले केरी भूतखांब ते कुटी पांडवसझे असो ८ किमी वाठार चलताना सतरकार हांणी ह्या वाठारात मेळपी वखदी वनस्पतीची / विद्यार्थ्यांक वकर्ष दिली. सैमाथी राखण जातत्री जाल्यार सैमाची आनी झाडां पाल्यांची नेमकी म्हायती आसप गरमेचे जीसा अर्शय तांणी सांगले. ज्या विद्यालयाचे १५० विद्यार्थी आनी शिक्षक निसर्ग फोवडेत वांटेकार जाल्लो

गोंयच्या ज्या मुसलमान भावांक 5/ हजयात्रेक तांणी हे खातीर अर्ज करचे. ही अर्ज करपाची प्रक्रिया सुरु जाल्या अशी म्हायती गोंय ह्याज समितीचे अध्यक्ष उर्फान मुल्ला हांणी आयज दिली. गोंयांतल्यान है यात्रेक वचपा खातीर दर मनशाक फकत 3.21 लाख रुपया दिवचे पडटान आनी हेर राज्यांच्या तुलनेत ही रक्कम बरीच उणी आसा, अशें मुल्ला हांणी स्पश्ट केलें.

गोंयांतल्यान सरासरी 170 हज यात्रेकरू यात्रेक करु/या वतात. मात हो आंकडो 300 चेर पावलो जाल्यार गोंयांतल्यानच थेट विमानाची वेवस्था करप शक्य आसा अशेंग मुल्ला हांणी सांगलें. फाटल्या वर्सा 162 यात्रेकरु हज यात्रेक गेल्ले अशी म्हायती तांणी दिली.

केंद सरकारान हज यात्रेचे नेम शिथील करून मेहरामचो कलम रद्द केला, तेखातीर आता बायलांक जाय जाल्यार एकटीच हे यात्रेक वचपाक मेळटा अशेंय मुल्ला हाणी सांगलें. गोंय राज्य हज समिती खातीर सरकारान स्वतंत्र वांगडी सचीव दिवचो, जाका लागून हजयात्राची प्रक्रिया सुटसुटीत जावंक शकतली. ✓ अनुदान वाडोवपाचीय मागणी तांणी केली. सध्या फकत 30 लाख रुपया अनुदान सरकार दिता. तशेंच हज यात्रेकरुं खातीर वेवस्था करपाक हो निधी कमी पडटा असे तांणी सांगले.